## म्हादयचे उदक वळोवपा बाबतीत मुख्यमंत्र्याच्या कार्यालया कडल्यान खुलासो

ता. 02 मार्च 2020

म्हादयचें उदक वळोवपाक दिवचे न्हय अशी मागणी करपी गोंय सरकारान सर्वोच्च न्यायालयात दाखल केल्ल्या स्थगिती याचिकेचेर सुनावणी घेतना सर्वोच्च न्यायालयान म्हादय उदका तंटो लवादाचो एप्रिल 17, 2014 चो अंतरीम आदेश अंमलात आशिल्ल्याचे नमुद करून कर्नाटक सरकार ऑक्टोबर 18, 2018 च्या आदेशात नमुद केल्ल्या अटींक पाळो दिले बगर कसलेच काम करपाक शकना म्हणपाचे नदरेक हाडले. ह्या खुलाशातल्यान सर्वोच्च न्यायालयान कनार्टक सरकार काम सुरू करतले म्हणपाच्या दिसाळ्याल्या बातम्यांचेर गोंय सरकारान उकतायिल्ल्यो हुस्को तगना आनी त्या खातीर गोंय सरकाराच्या याचिकेची आवश्यकता ना, अशें नमुद केला.

सर्वोच्च न्यायालयाच्या ह्या खुलाशातल्यान कर्नाटक सरकार काम सुरू करतले वा उदक वळयतले हे बाबातीत गोंयच्या लोकांमदी निर्माण जाल्ल्या हुसक्याची काळजी पयस जाल्या आनी गोंयच्या लोकांचे आनी म्हादयच्या हिताची राखण जाल्या. आनी त्या खातीर आमी ऑगस्ट 2020 त जावपी सर्वोच्च न्यायालयाच्या निमण्या आदेशाची आनी म्हादय उदका तंटो लवादाच्या निर्णयाची वाट पळोवपाक जाय. जर कर्नाटक सरकार बेकायदेशीर काम करता वा उदक घुंवडायता आसत जाल्यार गोंय सरकार सर्वोच्च न्यायालयात अवमान याचिका दाखल करतले, असो खुलासो आयज मुख्यमंत्र्याच्या कार्यालयाकडल्यान केला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/200

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA